9 February 2025 सकाळी - 8.40

## मुखेल खबरो

- दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत, आम आदमी पक्षाक हारोवन 27 वर्सां उपरांत, भाजपाचे निर्णायक जैत. सरकार घडोवपाची तयारी सुरु.
- दिल्ली वेंचणुकेचे निकाल, भाजपाच्या डबल इंजिन सरकाराचेर देशाक कितलो विस्वास आसा, हाचो संकेत दितात, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.
- भारतीय नौदला खातीर 11 नव्या पिळगेच्या, ऑफशोर गस्त जहाजांखातीर, संरक्षण मंत्रालयान, भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड कंपनी कडेन, कबलात केल्या.
- केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी वखदां उद्देगाक, दर्जो आनी नवनिर्माणाक प्राधान्य दिवन, मुखार येवचे, अशें सांगलां.
- दादल्यांच्या क्रिकेटात, तीन मॅचींच्या एका दिसाच्या खेळामाळेंतल्या, दुसऱ्या मॅचींत, आयज ओडिशात भारत, इंग्लंडा आड खेळटलो.

## आता पुराय खबरो

दिल्ली वेंचणूक - 120

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत, भारतीय जनता पक्षान निर्णायक जैत मेळयलां. आम आदमी पक्षाक हारोवन 27 वर्सां उपरांत भाजप सत्तेर परत आयला. 70 वांगड्यांच्या विधीमंडळांत भाजपाक, 48 सुवाती मेळ्ळ्यो जाल्यार आपाक 22 सुवाती मेळ्ळ्यो. काँग्रेसीक आपलें खातें उगडपाक अपेस आयलें. 35 सुवातांच्या अर्द्या परस चड सुवातो जिखपी पक्ष, राष्ट्रीय राजधानींत सरकार तयार घडयता.

भाजपा कडल्यान मुखेल जैतिवंत, परवेश साहिब सिंग, विजेंद्र गुप्त कपिल मिसरा, तरविंदर सिंग मारवाह आनी अरविंदर सिंग लवली हांचो आस्पाव जाता. आपाचे यशस्वी यशस्वी उमेदवारांत अतिशी, सोम दत्त, गोपाल राय, जर-नैल सिंग आनी इमरान हुसेन हांचो आस्पाव जाता. हारपी उमेदवारामदीं, आपाचे वरिश्ठ फुडारी अरविंद केजरीवाल, मनीष सिसोदिया आनी सौरभ भारद्वाज,

दुर्गेश पाठक आनी अवध ओझा, काँग्रेसीचे संदीप दीक्षित आनी भाजपाचे रमेश बिधुरी हांचो आस्पाव जाता.

मजगतीं, उपवेंचणुकांनी उत्तर प्रदेशांतल्या मिल्कीपूर विधानसभा मतदारसंघांतल्यान भाजपाचे चंद्रभानू पासवान जिखून घेतल्यात. ताणें समाजवादी पक्षाच्या अजीत प्रसाद हांकां 61,700 परस चड मतांच्या अंतरान हारयलो. तमिळनाडूंतल्या इरोड (उदेंत) विधानसभा मतदारसंघांत द्रविडा मुनेत्र कझगम(डीएमके)चे व्हीसी चंडीराकुमार हांणी जैत मेळयलां.

पीएम भाजप - 200

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेचे निकाल, भाजपाच्या डबल इंजिन सरकाराचेर देशाक कितलो विस्वास आसा, हाचो संकेत दितात, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींतल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत, भाजपा कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतना, मोदी हांणी दिल्लीचे खरे मालक दिल्लीचे लोक आसात, हें लोकांनी स्पश्ट केलां अशें सांगले. दिल्लीक आतां संवसारीक दर्ज्याची शारी मुळावी बांदावळ मेळटली. दिल्ली हें फकत शार न्हय, तर ‘एक भारत - श्रेष्ठ भारत’ ही कल्पना जिवोवपी मिनी इंडिया आसा, अशें प्रधानमंत्रीन मुखार सांगलें. समाजांतल्या दरेका वर्गान, भाजपाक मोट्या प्रमाणांत मत दिलें हाचेर प्रधानमंत्र्यान समाधान उक्तायलें. नारी शक्तीक दिल्लें दरेक उतर पुराय जातलें. बायला मतदार भाजपाची ढाल जाल्यात, अशें तांणी सांगलें. एनडीए म्हळ्यार बरे प्रशासन आनी उदरगत हाचेर, मोदी हांणी भर दिलो. एकुणिसाव्या शेंकड्यांत जल्मल्ल्या तरणाट्यांक, आतां पयलेच खेपे दिल्लींत बरे प्रशासन पळोवपाक मेळटलें, अशें तांणी स्पश्ट केलें.

आम आदमी पक्ष हो भ्रश्टाचार विरोधी पक्ष, भ्रश्टाचारी थारलो, असो दावो तांणी केलो. राष्ट्रीय राजधानीक नव्या उंचायेर व्हरपाक, पक्षाचेर विस्वास दवरपा खातीर, मोदी हांणी दिल्लीकारांचे उपकार मानले.

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेच्या मतदान निकालांतल्यान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी दिल्लीतल्या लोकांच्या काळजांत रावतात, अशें दिसून येता, अशें पक्षाचे अध्यक्ष जे.पी. नड्डा हांणी म्हळें. मोदीन देशाचें राजकारण बदललां. आप सारकिल्या भ्रश्ट पक्षाक लोकांनी न्हयकारला असो दावो नड्डा हांणी केला. तांणी राष्ट्रीय राजधानीच्या लोकांचे उपकार मानले आनी पक्ष कार्यकर्त्यांची तोखणाय केली.

## भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड -

संरक्षण मंत्रालयान, भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड कंपनी कडेन, भारतीय नौदला खातीर 11 नव्या पिळगेच्या, ऑफशोर गस्त जहाजां खातीर, 28 ईओएन-51 प्रणालीं खातीर, आनी तीन कॅडेट प्रशिक्षण जहाजां खातीर करार केला. ह्या कंत्राटाक 642 कोटी रुपयां वयर, खर्च येतलो. ईओएन-५१ ही इलॅक्ट्रो, ऑप्टिकल फायर कंट्रोल सिस्टीम आसून ती इलॅक्ट्रो ऑप्टिकल आनी थर्मल इमेजर्स उपकरणांचो उपेग करून, लक्ष्यांचो सोद घेता आनी वर्गीकरण दिता.

## पियुष गोयल -

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी वखदां उद्देगाक, दर्जो आनी नवनिर्माणाक प्राधान्य दिवन, भारताच्या वैजकी उदरगती फाटल्यान, चालक शक्त म्हणून मुखार येवचे, अशें सांगलां. मुंबयच्या भारतीय वखदां निर्माते संघटनेच्या 63व्या वर्सुकी दिसाच्या कार्यावळींत संबोधन करतना, मंत्री गोयल हांणी सांगलें, कि भारतीय वखदां उद्देगांत म्हत्वाची उदरगत जाल्या, पूण अजून बऱ्योच गजाली जावपाच्यो आसात. ह्या क्षेत्रांतल्या व्हड-ल्हान सगल्या कंपनींनी एकवटीत जावन, एकठांय येवन देशाक अभिमान जातलो अशे काम करूंक जाय, हांचेर मंत्री गोयल हाणी भर दिलो.

## वीरेंद्र कुमार -

समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री डॉ वीरेंद्र कुमार हांच्या अध्यक्षतेखाला, प्रधानमंत्री अनुसुचीत जाती अभ्युदय येवजणे खातीर, केंद्रीय सल्लागार समितीची बसका, नवी दिल्लींत

जाली. ह्या येवजणेचे प्रगतीचो नियाळ घेवप आनी देशभरांतल्या अनुसुचीत जाती समाजाच्या, समाजीक-आर्थीक उदरगतीचो हेत आशिल्ली रणनिती तयार करपाचेर, बसकेंत भर दिल्लो.

**World Book Fair – 95**

नवी दिल्लीच्या भारत मंडपांत चालू आशिल्ल्या संवसारीक पुस्तक मेळाव्याच्या 52व्या आवृत्तीचो आयज समारोप जातलो. णव दिसांच्या ह्या कार्यावळीचें उक्तावण राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी केलें आनी पन्नासा परस चड देशांनी वांटो घेतिल्लो. ते भायर सुमार दोन हजार प्रकाशक आनी एक हजार वक्तेय ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. नॅशनल बुक ट्रस्ट आनी इंडिया ट्रेड प्रमोशन ऑर्गनायझेशन हांणी आयोजीत केल्ल्या ह्या मेळाव्यांत शिक्षणीक पुस्तकां आनी कादंबरी ते चरित्र आनी कॉमिक पुस्तकां मेरेन वेगवेगळ्या प्रकारच्या पुस्तकांचो विस्तृत संग्रह दाखयलो. शिवाय, मेगा पुस्तक मेळ्यात अनेक लेखक चर्चा, पुस्तकांचे प्रकाशन, साहित्यिक सत्रे, सांस्कृतिक कार्यक्रम इत्यादींचा आस्पाव आशिल्लो.

**U'KHAND - NATIONAL GAMES – 110**

उत्तराखंडांत जावपी 38व्या राश्ट्रीय खेळां सर्तींत खेळगड्यांची असामान्य कामगिरी चालूच आसा. देहरादून, हल्द्वानी आनी हेर सुवातींनी जावपी सर्तींनी खेळगड्यांनी आपली उत्कृश्ट कुशळटाय दाखयल्या.

आयज तेराव्या दिसा खेळां मोगीं खातीर, ऍक्शनान भरिल्लें वेळापत्रक आसा. देहरादूनांत रोमांचक एथलेटिक्स सर्ती आनी जिमनास्टीक सर्त जातली, जाल्यार सिएट-टल एड्रेना-लाईन पंपिंग माउंटेन बाइकिंग सर्तीखातीर तयारी करतले. ह्या दिसा तेहरींतल्या बीच कबड्डी वांगडाच, इलेक्ट्रीक राफ्टिंग सर्तय जातली. मजगतीं, हॉकी, नेटबॉल, टेबल टेनिस आनी टेनिस ह्या मळार मॅची जातल्यो. पदकांच्या आंकडेवारींत सर्विसेस 42 भांगरा पदकां घेवन फुडें आसा. कर्नाटक 30 भांगरा पदकां घेवन दुसरे सुवातेर आसा, जाल्यार महाराष्ट्र 25 भांगरा पदकां घेवन तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

**क्रिकेटां -**

**दादल्यांच्या क्रिकेट खेळात आयज दनपारां, कुट्टकांतल्या बाराबाती स्टेडियमाचेर, तीन मॅचींच्या एका दिसाच्या माळेंतल्या, दुसऱ्या मॅचींत, भारता इंग्लंडा आड खेळटलो. ही मॅच दनपारां 1:30 वरांचेर सुरू जावपाची आसा. नागपूरांत जाल्ली पयली एका दिसांची मॅच, भारत चार विकेटींनी जिखला. आता सगळ्यो मेचीं जिखून, मालिकेंत आघाडी मेळोवपाचो भारताचो हेत आसतलो.**

**टेनिस मुंबई -**

**मुंबय उक्ते टेनिस सर्तींत आयज बायलांच्या दोट्टी गटाच्या फायनलींत, प्रार्थना थोंबरे आनी एरियान हार्टोनो हि भारतीय-डच जोडी, अमीना आंशबा आनी एलेना प्रिडां-किना ह्या रशियन जोडी आड खेळटली. सांजवेळा 5 वरांचेर ही मॅच सुरू जावपाची आसा. थोंबरे आनी हार्टोनो फायनलींत पावपाचें, हें सेगीत दुसरें वर्स आसतलें. बायलांच्या एकोड्या सर्तींत भारताची 15 वर्सां पिरायेच्या माया राजेश्वराचो, उल्लेखनीय खेळ काल सेमीफायनलांत सोंपलो. तिका स्वित्झर्लंडाच्या जिल टेच-मनान 3-6, 1-6 अशा सेटांनी हारयली.**

**आयएमडी हवामान -**

**उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी ओडिशाच्या एकसुरे वाठारांनी फाल्यां मेरेन, फातोडेर दाट धुकें पडटलें, असो अदमास भारत हवामान खात्यान सांगला. तशेंच फुडल्या पांच दिसांत, वायव्य भारतात उण्यांत उणें तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडटलें, असो अदमास आयएमडीन उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण, ह्या म्हयन्याच्या 11 तारखेक अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात काय सुवातानी जगलासंयत, गडगड मारपाची, शक्यताय आसा.**

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत, आम आदमी पक्षाक हारोवन 27 वर्सां उपरांत, भाजपाचे निर्णायक जैत. सरकार घडोवपाची तयारी सुरु.

- दिल्ली वेंचणुकेचे निकाल, भाजपाच्या डबल इंजिन सरकाराचेर देशाक कितलो विस्वास आसा, हाचो संकेत दितात, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

- भारतीय नौदला खातीर 11 नव्या पिळगेच्या, ऑफशोर गस्त जहाजांखातीर, संरक्षण मंत्रालयान, भारत इलॅक्ट्रॉनिक्स लिमिटेड कंपनी कडेन, कबलात केल्या.

- केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी वखदां उद्देगाक, दर्जो आनी नवनिर्माणाक प्राधान्य दिवन, मुखार येवचे, अशें सांगलां.

- दादल्यांच्या क्रिकेटात, तीन मॅचींच्या एका दिसाच्या खेळामाळेंतल्या, दुसऱ्या मॅचींत, आयज ओडिशात भारत, इंग्लंडा आड खेळटलो.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर.